आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :12 /06/2025   7.20 p m

प्रादेशिक  खबरो

अहमदाबाद सावन लंडनात वचपी एयर इंडियाचे प्रवासी विमान आयज अहमदाबादैतल्या मेघनी नगर वाठारांत कोसळ्ळें पुलीस आनी उजो पालोवपी दळ, बचाव आणि मजती खातीर, झुजा पांवड्यार वावुरतात. अपघात सुवातेर वचपी सगले रस्ते येरादारीखातीर बंद दवरल्यात. जखमींक सरकारी सरकारी हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात, आजी अपघाताचें कारणविशी चवकशी सुरु आसा. हे विमानांत 242 प्रवासी आशिल्ले तातूंतले 169 भारतीय आनी 53 ब्रिटीश 7 पोर्तुगेज आनी एक कॅनडियन नागरिक आशिल्ले अशी एअर अशी एअर इंडियान सामलें, मजगती नागरी विमानन मंत्री के राममोहन नायडू हांणी हे घडणुके विशी दुख परगटायला. सगल्या आपत्कालीन प्रतिसाद दळाँक कारवाय करपाचे निर्देश दिल्यात,

इतले मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी घरमंत्री अमित शहा आणि नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू हांचे वांगडा उलयतना अपघाताचो नियाळ घेतलो. सरदार वल्लभभाई पटेल आंतरराष्ट्रीय विमानतळ फुडले सुचोवणे मेरेन बंद दवरला,

युरोस्टॅम्पाचो आशिया खंडांतलो पयलो उत्पादन कारखानो गोंयात वेर्णा हांगा सुरू जाला.ह्या कारखान्याचे उक्तावण मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज जाले. उत्पादन लेबलिंग  eueostmpa कंपनी ही संसारभर फामाद आसा.

ह्या कार्यावळीक  उद्देग मंत्री मौविन गुदीहो, मुंबयंत इटलीचो महावाणिज्य दूत श्री वाल्टर फेरारा, युरोस्टॅम्पाचो संस्थापक आनी अध्यक्ष लुसियानो सिलारियो, जीआयडीसीचे अध्यक्ष आमदार  अलेक्सो रेजिनाल्डो, हाजीर आशील्ले.

हेर जायत्या आशियाई सुवातीं परस युरोस्टॅम्पान गोंयची निवड करप ही गोंयाखातीर अभिमानाची बाब जांवन आसा अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोदासावंत हांणी म्हळा.

जाल्यार उद्देगीक फुडाराच्या नदरेतल्यानही अभिमानाची बाब आसा. ही सुविधा ‘मेक इन इंडिया’ आनी ‘मेक इन गोवा’ मिशनांची एक चकचकीत देख  अशे मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी म्हणला.

डॉन बॉस्को कॉलेज ऑफ इंजिनियरिंग कडेन युरोस्टॅम्पाच्या भागीदारी सारकिल्या उपक्रमांक लागून थळाव्या संदांनी आमच्या तरणाट्यां  रोजगार मेळटलो अशी आस्त ह्यावेळार मानेस्तांनी व्यक्त केला.

रस्त्यावर बेवारस रितीन पार्क करुन दवरिल्ल्या वाहनांच्या आड पुलीस ह्याफुडे खर कारवाय करतले. अशा वाहनांच्या मालकांक ती वाहनां रस्त्यावयल्यान काडपाखातीर नोटीस धाडटले. आनी आठ दिसांत ती वाहनां रस्त्यावयल्यान काडूंक ना जाल्यार ती जप्त करुन कावलात काडटले अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.मुखेलमंत्र्यांच्या हस्तुकी आयज फातोड्डे हांगा सुरु केल्ल्या येरादारी पुलीस स्थानकाचे उक्तावण जाले. ह्यावेळार फातोड्डेचे आमदार विजय सरदेसाय, पुलीस महासंचालक आलोक नाथ, पुलीस अधीक्षक प्रबोध शिरवयकार तसेच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले

भारत सरकारच्या पत्र सूचना कार्यालय तसेच प्रसारण मंत्रालया खालाचल्पी आकाशवाणी दूरदर्शन तसेच वांबोळीच्या एचपीटी आकाशवाणी च्या जोडपालवार सगळ्या अधिकारी आणि कर्मचाऱ्यांसाठी आंतरराष्ट्रीय योग दिन 2025 च्या निमतान आयज सामूहिक योग कार्यावळ घडवोण हाडली . ही कार्यावळ पणजीच्या इन्स्टिट्यूट ऑफ मेनेझेस ब्रागांझाच्या सभाघरात जाली .

प्रधानमंत्र्याच्या संदेशांतल्यान प्रेरणा घेवन हे कार्यावळीचो हेत योगा वरवीं बऱ्यापणाचो प्रसार करपाचो आशिल्लो. प्रसार भारतीचे गोंयचे उपमहासंचालक संदीप श्रीवास्तव हांणी सहभागी लोकांक संबोधीत करून वैयक्तीक आनी राष्ट्रीय प्रगतींत बऱ्या भलायकेची भुमिकेचेर भर दिलो. भलायकेन भरिल्ल्या जिणे खातीर सगल्यांनी योगाचो आस्पाव आपल्या दिसपट्ट्या वेव्हारांत करपाचे आवाहन तंणी केले . योग प्रशिक्षक गिरीश पारुलेकर हांणी योगावीशी मार्गदर्शन केले जातूत प्रेस म्हायती ब्युरो, केंद्रीय संचारण ब्युरो, अखिल भारतीय रेडिओ आनी दूरदर्शन ह्या सारक्या म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या वेगवेगळया खात्यांचो सक्रीय वांटो आशिल्लो.

गोंय पर्यटन खात्यावतीन मान्सुन पर्यटनाकडे पर्यटकांक आर्कशित करपाखातीर glow on arrival हो खासा caimpaign आयच्यान चालीक लायला.पावसात सैमान नटील्ले गोंय अणभवत पर्यटनाच्या आनंदासयत सुशेगातीन पर्यटन enjoy करपाखातीर ही संकल्पना गोंय पर्यटन खात्यान खासा चालीक लायला अशी म्हायती ह्यिवेळार पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी दील्या. रानात भोंवडी,दायज थळांचेर खासा भोंवडी,aurvedic therepy, योगा, wellness retreats, तशेंच hinterland तले hme stay चो अणभव घेवपाक गोंयचो मान्सुन हंगाम पर्यटकांखातीर एक पर्वणीच थारतली अशे तांणी म्हळा.

हे शिवाय पावसातले गोंयचे पारंपारीक सण ,प्रथा जातुन सांज जाव,चिखल कालो, ह्या सारख्या कार्यावळीचो आस्वाद लेगीत गोयांत मान्सुन पर्यटनाक येवपी पर्यटकांक अणभवपाक मेळटलो अशी म्हायती केदार नायक हांणी दील्या.

पाेरण्यो जावन मोडपाक पाविल्ल्याे मडगावांतल्यो दोन पोरण्यो इमारती मोडून उडोवपाचो आदेश दक्षिण गोंयच्यो जिल्हाधिकारी ॲग्ना क्लिटस हांणी जारी केला. ते आदी ह्या इमारतींतल्या लाेकांक भायर काडचे अशो सुचोवण्यो तांणी आपत्ती वेवस्थापन विभागाक केल्यात.

आयज जिल्हाधिकाऱ्यांनी आपत्ती वेवस्थापन समितीच्या अधिकाऱ्यांबरोबर बसका घेवन चर्चा केली. मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हेय ह्या बसकेक हाजीर आशिल्ले. मात एका इमारतीत रावपी लोकांनी स्वत: जावन ती इमारत दुरुस्त करपाचो प्रस्ताव जिल्हाधिकाऱ्यांमुखार दवरिल्ल्यान ह्या आदेशाक धा दिसांची स्थगिती दिल्या अशी म्हायती क्लिटस हांणी दिली. ह्या धा दिसांमदीं इमारतीतल्या लोकांनी फावो ते सुरक्षेचे उपाय घेवचे आनी मडगाव पालिकेची परवानगी घेवन कामाक सुरुवात करची अशी सुचोवणी तांणी केली.

पंदरा दिसां परस चड काळ चलत आयिल्ल्या विकसीत कृशी संकल्प अभियानाचो समारोप सुवाळो आज आयसीएआर पोरन्या गोंयांत जालो. फाटले पंदरा दीस आयसीएआर, दोन गटांनी उत्तर गोंयांतल्या सुमार 63 गांवांनी वचून शेतकारांक आनी गांवकारांक वेगवेगळया सरकारी येवजण्यां विशीं म्हायती दिताले. भारत सरकाराच्या विकसीत शेती संकल्प अभियानाचो एक भाग म्हूण हो उपक्रम चालीक लायिल्लो. आयज जाल्ल्या समारोप सुवाळयाक राज्यसभा खासदार सदानंद शेठ तनावाडे हे मुखेल सोयरे म्हणून हाजीर आशिल्ले, ह्या वेळार माच्येर कृशी खात्याचे संचालक संदीप फलदेसाय, नाबार्डाचे सरव्यवस्थापक संजय धनकर, आयसीएआरचे पदाधिकारी आनी हेर मानेस्त हाजिर अशिलले. ह्या वेळार उलयतना खासदार तनावाडे हांणी आयसीएआरच्या उपक्रमाची तोखणाय केली

दिवचल म्हलातल्या मये ग्रामपंचायतचे नवे सरपंच म्हणून वासुदेव गावकर हांची आयज बिनविरोध निवड जाली तर उपसरपंच पदार सीमा आरोंदेकर हांची निवड जाली . कांय दिसांपयली कनिवी कवठणकर सरपंच जाल्ले पूण  निवड जाल्या उपरांत फकत दोन वरां भितर नवनिर्वाचित सरपंच कनीवि कवठणकर यांच्या आड भाजप पुरस्कृत सात पंचवंगड्यांनी  अविश्वास ठराव दाखल केलो. नवीन सरपंच पदाखातीर आयज पंचायत कार्यालयात खासा बसका झाली .हे बसकेंत वासुदेव गावकर यांची सरपंच पदार तशेच सीमा अरोंदेकर यांची उपसरपंच पदार बिनविरोध निवड झाली. सरपंच पदावर निवड जातटच मये पंचायतीचे सरपंच वासुदेव गावकर हाणीं सांगले  की मये पंचायतीच्या सर्वांगी उदरगती खातीर आपुण सगळयांकबरोबर घेवन काम करतलो तशेच  मतदार संघाचे आमदार श्री प्रेमेंद्र शेट हांच्या मार्गदर्शनाखाला आपुण मये पंचायत वाठाराची  सर्वांगी उदरगत घडोवन हाडपाखातीर  मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचे मार्गदर्शन घेतलो.हे वेळार पंचायतीचे हेर पंचवांगडी हजर आशिल्ले.

बेतकी खांडोळे पंचायतीन घडोवन हाडिल्ले बेतकी खांडोळे व्होलिबोल प्रीमीयर लिग सर्तींत शौर्य स्ट्रायकर पंगडान वस्तादपण जोडलें.निमणे खेळांत ताणी आई मंडोदरी पंगडाचेर ३/२ सेटानी जैत जोडीत सर्तिच च्या वस्तादपणासयत करंड आनी रोख इनाम मेळयलें.फायनलीच्या खेळाक मुखेल सोयरे म्हण खांडोळे पंचायतीचे सरपंच विशाल नायक,प्रा दयानंद भगत,पालवी सरपंच संजीवनि तळकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.सर्तींतलो उत्कृश्ट खेळगडो म्हूण स्नेहल नायक, उत्कृश्ट स्पायकर आकाश नायक,बरो डिफेंडर म्हूण मिलींद वाडकार जाल्यार बरो सेटर म्हूण आशिश गावडे हांका मानेस्तांचे हस्तुकीं रोग आनी यादस्तिकांरुपान इनामां भेटयलीं.हेवेळार मुखेल सोयरे विशाल नायक आनी प्रा दयानंद भगत हांची उलोवपां जालीं.गौरेश खांडोळकार हाणी सुत्र संचालन केलें जाल्यार सत्यवान फडते हाणी उपकार मानले.

इतलें मजगतीं,गोवा स्कूल ओफ ओकिनावा मार्शल आर्टस हाणी घडोवन हाडिल्ल्या निमंत्रीत कराटे सर्तींत विदीत नायक हाणे कुमिते प्रकारांत भांगरा पदक जोडलें.वि पी के चे अध्यक्ष दुर्गादास गावडे हांचे हस्तुकीं तांकां भांगरा पदक आनी तसरीप भेटयली.

बंगाल उपसागर आनी आंध्र प्रदेश दर्यादिगेर चक्रीवादळासारकी परीस्थिति निर्माण जाल्ल्या कारणान गोंयांत १२ तें १७ जून मजगतीं पावसाचो नेट बरोच वाडटलो.पावसावांगडा दर वराक ३० तें ४०किलोमीटर इतल्या नेटान वारें मारतलें. वार्याचो नेट ५० किलोमिटर मेरेन पावपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान म्हळां.ह्या काळांत नुस्तें कारांनी दर्यांत वचचें न्हय अशी शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.हवामान खातयान नोंद केलां ते प्रमाण आयज राज्यांत चडांत चड तापमान 32.6 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान25.7 अंश सेल्सियस इतलें नोंद केलां.